आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा विभागा

मुखेल खबरो

- में 2026 मेरेन 248 mld अतिरिक्त उदकाची purvan जातली आनी वेगवेगळ्या उदका स्त्रोतातल्यान हे उदक मेलटले आशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रॉड सावंत हांनी सांगला
- मये, नेवरा आनी सालझोरा प्रस्तावित कोकण रेल्वे च्या रेल्वे स्टेशनांक थळाव्या लोकांचो विरोध आसा, मात इतके आसुनुय सरकार ही स्टेशना गोंयांत कित्याक हाडपाक सोदता काय, ह्या स्टेशनांची गोंयांत तरी गरज ना अशे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी म्हणला
- 'सुरक्षित तट समृद्ध भारत' हो संदेश घेऊन केंद्रीय औद्योगिक सुरक्षा दलाच्या (सीआयएसएफ) जवानांच्या एका रॅलीन देशभरातल्या कितलेशाच राज्यांतल्यान ६५५३ किलोमीटराचो सायकली वेल्यान प्रवास सुरू केला
- नवो प्रादेशीक आराखडो तयार करपाचो सरकाराचो कसलोच विचार ना. लोकसंख्येची आकडेवारी नाशिल्ल्यान प्रकल्पांक मान्यताय दितना लोकसंख्येचो विचार जाय ना, अशी लेखी जाप नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.
- अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करा, तांका निव्त्ती वेतन दियात, तशेच भलायकीचो विमो, गुरुवारपणान सुटयेटी तजवीज करात अशी मागणी मयेचे आमदार प्रेमेद्र शेट हांणी विधानसभेच्या पयल्याच दिसाच्या कामकाजानवेळार केला.

आता पुराय खबरो

Water rashmi 190

मे 2026 मेरेन 248 MLD अतिरीक्त उदकाची पुरवण जातली, वेगवेगळ्या उदका स्त्रोतातल्यान हे उदक मेळयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघरात दिल्या सध्या राज्यात 695 MLD उदकाची पुरवण जाता. जाल्यार उदकाच्या गरजेप्रमाण 50 MLD उदकाचो उणाव सध्या आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेंच भैशिक

बांधकाम कात्याचे मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयात सगळीकडे सद्दा नेमान उदका पुरवण जाता, कांय वेळार उदका पुरवण यंत्रणेत तंत्रिक आडमेळी येत जाल्यार मात उदका पुरवणीचेर परीणाम जाता अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या. सध्या 24 वरा उदका पुरवण करप शक्य ना , मात सद्दा 4 वरा तरी प्रत्येक घराक उदक मेळटलेच अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांनी लक्षवेध सुचनेवेळार गोंयतलो उदका पुरवणीचो प्रस्न लक्षवेधी सुचनेळार मांडील्लो. ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्र्यान संबंधित म्हायती दिल्या.

गोंयांत आशिल्या सैमिक उदका स्त्रोतांची नोंद सरकारान केला, तशेंच ताका क्यु. आर कोड सुध्दा दिला. हाका लागुन फुडारात जर उदका स्त्रोताची जर कोणी पुरोवपाक गेली जाल्यार ताचेर कडक कारवाय जातली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. खासगी टॅन्कर कराक उक सप्लाय खंयच्या स्त्रोतातल्यान करता, पम्पिंग स्टेशनाची म्हायती हयानफुडे नोंद करप सक्तीचे आसतले, ना जाल्यार तांचेर कारवाय जातली अशीय शिटकावणी मुखेलमंत्र्यान दिला. फुडल्या एप्रिल आनी मे म्हयन्यासांवन म्हणल्यारुच गिमान गोंयांत उदकाचो उणाव आसचो ना अशेंय आस्वासन मुखेलमंत्र्यान दिला.

state govt hospital rashmi 170

गोयच्या सरकारी हॉस्पिटांनी वेगवगळया दुयेसांटचेर उपचार दिवपाक महत्वाची यंत्रणा , माखना नाशिल्लयान रेफरल्स दिवन ह्या दुयेतींक बिगडील्लया भलायकीसयत गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या हॉस्पिचलात उपचार घेवपाक येवचे पडटा, ,सरकार भलायकी खात्यान लागपी साधन सुवइद केन्ना सक्षमपणान सघल्या सराकरी हॉस्पिटलांनी, आरोग्य केंद्रांनी उबी करतली काय असो प्रस्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी आयज प्रस्नोतराच्या वराक भालयकी मंत्री विश्वजीत राणे हांका केला. फाटल्या पाच वर्साच 1 लाख 80 हजार 256 रेफरल्साचेंर दुयेतींक उपचार घेवपाची पाळी

आयल्या, जाल्यार फाटल्या पाच वर्सात राज्यात 15842 अपघात जाल्यात अशी म्हायती युरी आलेमाव हांणी सभाघराक दिला.

उत्तर तशेंच दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलात icu ,ccu, neurology, orthopedics, city scan,, mri ह्या सारख्यो सुविधा उपलब्ध ना अशे तांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

ह्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांमी गोंय हे बरी भलायकी दिवपी राज्य जांन आसा अशे म्हणला. भलायकी खात्यान कांय सुविदा उपल्बध ना ही बाब हांव मान्य करता, मात त्यो त्रुटी कमी करपाक सरकारा यत्न करता अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या. सगळया सरकारी हॅस्पिटलांनी दोतोर, तशेंच हेर मनीसबळ आनी साधन सुविदा उपलब्ध करपाच्या हेतान भलायकी खात्याचे काम सुरु आसा अशी म्हायती तांणी युरी आलेमाव हांका दिला.

Railway 120 rashmi

मये, नेवरा आनी सालझोरा प्रस्तावित कोकण रेल्वे च्या रेल्वे स्टेशनांक थळाव्या लोकांचो विरोध आसा, मात इतके आसुनुय सरकार ही स्टेशना गोंयांत कित्याक हाडपाक सोदता काय, ह्या स्टेशनांची गोंयांत तरी गरज ना अशे सांत आंद्रेचे आमदार विरेश बोरकार हांणी म्हणला, जाल्यार विरोधी पक्ष फुडारी ही स्टेशना कोळस्याच्या येरादारी खातीर बांदपाक सोदता काय किते असो प्रस्न येरादारी खात्याचे मंत्री माविन गुदिन्हो हांका केल्लो.

ही तीन रेल्वे स्टेशना 1998 वर्सा कोकण रेल्वे तयार करपाचो निर्णय घेतिल्लो. ही रेल्वे स्टेशना येत जाल्यार रेल्वे प्रवास करपी मन्नशांक तांचो लाव जातलो. सध्याक रेल्वे थांबो नाशिल्यान लोकांक कांय थंय रेल्वे प्रवास करपाक मेळना.

जाल्यार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ही रेल्वे स्टशना आताच्या कळाची गरज असे म्हणला. रस्त्यावेली येरादारीचो ताण कमी करपाक रेल्वे येरादारी महत्वाची आसा अशे म्हणला. रेल्वे स्टेशनांक लोकांनी विरोध करचो न्ही अशे म्हणला.

महेश mormugao 190

'सुरक्षित तट समृद्ध भारत' हो संदेश घेऊन केंद्रीय औद्योगिक सुरक्षा दलाच्या (सीआयएसएफ) जवानांच्या एका रॅलीन देशभरातल्या कितलेशाच राज्यांतल्यान ६५५३ किलोमीटराचो सायकली वेल्यान प्रवास सुरू केला . या मोहिमेअंतर्गत केंद्रीय औद्योगिक सुरक्षा दलाचे एकूण १२५ (सीआयएसएफ) जवान सहभागी जाल्यात. काल हे सगळे जवान मुरगाव पोर्ट अथोरीटी सडा - वास्को हांगा ठिकाणी दाखल जाले. तांका वास्कोच्या तिनुय आमदारांनी येवकार दिलो.

सीआयएसएफ च्या दर्यादेग सुरक्षेच्या वचन बद्धते बद्दल आणि भारताच्या आर्थिक समृद्धीचे रक्षण करपाक हि रॅली काडल्या . या सायकल रॅलीत १४ धाडसी बायला जवानांचो आसपाव आसा. मुरगाव पोर्ट अथोरीटी सुवातेर आयतार आनी सोमार दोन दिस कार्यक्रम जाले

या रॅलीची काय उद्दिष्टाआसात.

दर्या समुदायांक संवेदनशील करप ड्रग्ज, शस्त्रा आणि स्फोटकांच्या तस्करीसारख्या संभाव्य धोक्यांबद्दल नागरिकांक शिक्षित करष आणि दक्षता वाढोवप. समुदाय - सुरक्षा एजन्सी भागीदारी मजबूत करप अधिक मजबूत सुरक्षा नेटवर्काखातीर स्थानिक समुदाय आणि सुरक्षा एजन्सींमदी बरो समन्वय वाडोवप. तशेच देशभक्ती जागृत करप : राष्ट्रीय अभिमानाची प्रेरणा दीवप आणि स्वातंत्र्यसैनिक, सुरक्षा कर्मचारी आणि त्यांच्या कुटुंबियांनी केल्या बलिदानांची जागृती करप भारताची समृद्ध सागरी संस्कृती मनोवप: ही रॅली भारताच्यो वेगवेगळयो दर्या परंपरा, इतिहास आणि भूगोलाबद्दल लोकांक शिक्षित करपाक एक माची म्हणून काम करतले . या बद्दल वास्कोचे आमदार दाजी साळकर, संकल्प आमोणकर, आणि माविन गूदीन्हो हांणी आपले विचार मांडले .

Sushant 60

मडगाव पालिकेचे फुडल्या आर्थिक वर्साचे अदमासपत्रक आयज एका खाशेल्या बसकेत मानून घेतले. मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी  एक कोटी ६५ लाख रुपयांचे शिलकी अदमासपत्रक आयज बसकेमुखार मांडले.

मडगाव पालिकेत अंदू वर्सा आपल्या करांनी व्हड वाड केल्या अशी टीका ह्या आदी मडगाव पालिकेचेर केल्ली. मात्र ही वाड फकत १० ते १५ टक्केच मर्यादित अ◌ासा असो खुलासो नगराध्यक्ष शिरोडकार हांणी केलो. आयचे बसकेत विरोधकांनी ही करवाढ फाटी घेवची अशी मागणी केली.

गणेश

१५२

नवो प्रादेशीक आराखडो तयार करपाचो सरकाराचो कसलोच विचार ना. लोकसंख्येची आकडेवारी नाशिल्ल्यान प्रकल्पांक मान्यताय दितना लोकसंख्येचो विचार जाय ना, अशी लेखी जाप नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.

आमदार कार्लोस फेरेरा आनी आमदार विजय सरदेसाय हांचे लेखी तारांकीत प्रस्नाक नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ही लेखी जाप दिल्या.

सरकार घरनिर्माण वा हेर प्रकल्पांक मान्यताय दितना गावातल्या वा वाठारातल्या लोकसंख्येचो

लागून गावच्या लोकसंख्येची आकडेवारी सरकाराकडेन उपलब्ध ना.

घरनिर्माण तशेच हेर प्रकल्पांक गोंय जमीन उदरगत आनी इमारत बांदकाम नेम २०१०प्रमाण मान्यताय दिली वता. तशेच ओडीपीतील्या तजविजेप्रमाण एफएआर, रस्त्याची रूंदाय तशेच पार्किंगाचो विचार करून प्रकल्पांक मान्यताय दिता, अशे लेखी जापेत म्हणला.

रस्त्याची रूंदाय ६ मीटरापरस उणीं आसताना प्रकल्पांक मान्यताय कशी दिली? अशी विचारणा लेखी प्रस्नात केल्ली. जमीन उदरगत आनी इमारत बांदकाम नेम २०१० प्रमाण सरकारान रस्त्याच्या रूंदायेचो विचार करून प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या, अशें लेखी जापेत म्हणला.

Anganadi rasmi 150

अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करा, तांका निव्ती वेतन दियात, तशेच भलायकीचो विमो, गुरुवारपणान सुटयेटी तजवीज करात अशी मागणी मयेचे आमदार प्रेमेद्र शेट हांणी विधानसभेच्या पयल्याच दिसाच्या कामकाजानवेळार केला. भाड्याच्या रुमांनी चलपी अंगनवाडीक सरकार कायम स्वरुपी सरकारी वास्तु कित्याक दिना कांय असो प्रस्न तांणी ह्यावेळार केला. अंगणवाडीची वास्तु महसुल वा कम्युनिदाद मालकीच्या सुवातीनी सराकरान उबारच्यो असी सुचोवणी आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी सरकाराक दिल्या. गोंयांत 1261 अंगनवाडी कर्मचारी आसात, ह्या सगळयाचो विचार सराकरान करचो अशी मागणी तांणी ह्यावेळार केला. गोंय विधानसभेचे अर्थसंक्लपिय अधिवेशन आयच्यान सुरु जाला.

ह्यावेळार बायल आनी भुरगी उदरगत खात्याचे मंत्री विस्वजीत राणे हांणी गोंयांत सध्या 1290 अंगनवाडी आसात अशी म्हायती सभाघराक दिली. अंगनवाडी कर्मचार्याचो मानधनात 2021 निमणी वाड जाल्ली असीय म्हायती तांणी ह्यावेळार दिला. जाल्यार राजस्थान सरकाराच्या नंन्दघर ह्या उपक्रमाप्रमाण गोंयांतुय अंगनवाडी सक्षम करपाचो गोंय सराकराचो विचार आसा अशें तांणी म्हणला.

ह्यावेळार बाणावलीचे आमदार वेन्जी विएगश हांणी राज्यातल्या अंगनवाडीची बबात स्थिती आसुन ही परीस्थिती सुदारपाची गरज आसा अशे म्हणला.

Waves 80 mahesh

प्रामाणिक सतकथा आणि नाविन्यपूर्ण मनरीजवणे खातीर भुकेल्या जगात, भारत जागतिक मीडिया लँडस्केपात क्रांती घडोवन हाडपाक सज्ज आसा. वर्ल्ड ऑडिओ व्हिज्युअल अँड एंटरटेनमेंट समिट (WAVES) हे फक्त मीडिया आणि मनरीजवणेतले आनीक एक भागधारक ना - ते एक परिवर्तनकारी दृष्टीकोन दर्शयता जे जगभरातल्या निर्माते, धोरणकर्ते आणि प्रेक्षकांकडे कशे जोडतात हे परत परिभाषित करतले

: १-४ मे २०२५ मजगती मुंबयत जावपी #WAVES हो क्रिएटर इकोसिस्टम खातीर @MIB_India वरवी हातात घेतलेलो कदाचित सगळ्यात दूरदर्शी उपक्रम म्हणून उदेता येत जागा लागुन जागतिक मनरीजवण  माचयैखातीर एक नवीन भांगरा मानक स्थापित जातलो

Brian 110

राज्यात राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची कार्यवाय सुरू जाल्या. एनसीईई आरटीची पुस्तकां लागू करपाचो निर्ण य सरकारान घे तला. पयली, दु सरी, तिसरी आनी सव्या यत्ते खातीर पु स्तकां लागू जाल्या. चौ थी, पाचवी, सातवी, आठवी, नवी आनी धाव्या यत्ते खातीर एनसीईई आरटीची पु स्तकां लागू जातली. ही पुस्तकां आजू नये वं कना. ही पुस्तकां आयले उपरां त छत्रपती शिवाजी

महाराज, सं भाजी महाराज तशे च दे शाखातीर व्हड यो गदान दिल्ल्या राष्ट्र पु रुषां चे धडे अभ्यासक्र मात लागू करतलें

आता खबरो सोपोवचे पायलि परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- में 2026 मेरेन 248 mld अतिरिक्त उदकाची purvan जातली आनी वेगवेगळ्या उदका स्रोतातल्यान हे उदक मेलटले आशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रॉड सावंत हांनी सांगला
- मये, नेवरा आनी सालझोरा प्रस्तावित कोकण रेल्वे च्या रेल्वे स्टेशनांक  थळाव्या लोकांचो विरोध आसा, मात इतके आसुनुय सरकार  ही स्टेशना गोंयांत कित्याक हाडपाक सोदता काय, ह्या स्टेशनांची गोंयांत  तरी गरज ना अशे सांत आंद्रेचे आमदार  विरेश बोरकार हांणी म्हणला
- 'सुरक्षित तट समृद्ध भारत' हो संदेश घेऊन केंद्रीय औद्योगिक सुरक्षा दलाच्या (सीआयएसएफ) जवानांच्या एका रॅलीन देशभरातल्या कितलेशाच राज्यांतल्यान ६५५३ किलोमीटराचो सायकली वेल्यान  प्रवास सुरू केला

- नवो प्रादेशीक आराखडो तयार करपाचो सरकाराचो कसलोच विचार ना. लोकसंख्येची आकडेवारी नाशिल्ल्यान प्रकल्पांक मान्यताय दितना लोकसंख्येचो विचार जाय ना, अशी लेखी जाप नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.
- अंगणवाडी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करा, तांका निव्त्ती वेतन दियात, तशेच भलायकीचो विमो, गुरुवारपणान सुटयेटी तजवीज करात अशी मागणी मयेचे आमदार प्रेमेद्र शेट हांणी विधानसभेच्या पयल्याच दिसाच्या कामकाजानवेळार केला.